## न्यायालयांच्या कामकाजासंबंदी सुचोवणी

**ता. 23 एप्रिल 2021**

कोरोना विशाणूचो प्रादुर्भाव लक्षात घेवन गोंय सरकारान आपल्या नियंत्रणाखालची सगळीं न्यायालयां आनी अर्द-न्यायिक प्राधिकरणांक म्हळ्यार महसूल न्यायालयां, भुरग्यांचे न्यायालय, उद्देगीक न्यायालय, प्रशासकीय लवाद, कामगार न्यायालय, रेरा, गोंय मानवाधिकार आयोग, गोंय राज्य गिरायक मंच, गोंय राज्य गिरायक आयोग, गोंय राज्य माहिती आयोग आनी हेर अर्द-न्यायिक प्राधिकरणांक म्हळ्यार भाडे नियंत्रक, पंचायत संचालक / उपसंचालक, मामलेदार / जोड मामलेदार/ गट विकास अधिकाऱ्यांक सकयले प्रमाण निर्देश दिल्यात आनी तांचे कडक पालन करपाची सुचोवणी केल्या.

वयल्या सगळ्यां न्यायालयांनी फकत ताकतीकेच्या गजालींचो विचार करचो जशें ताकतीकेच्या आदेश वा हुकूमाखातीरचे अर्ज, स्थगिती दिवप आनी अशो हेर ताकतीकेच्यो गजाली. वयल्या संबंदीत न्यायालयांचे सक्षम अधिकारी आपआपल्या जिल्ह्यातल्या सध्याच्या परिस्थितीप्रमाण कोर्टाच्या कामकाजाच्या वेळेबाबतीत निर्णय घेतले. गर्दी आनी लागीचो संपर्क टाळप हो ह्या फाटलो उद्देश आसा. पुण तांणी प्रयत्न करपाक जाय की कोर्टाचे एका दिसाचे कामकाज 3 वरां परस चड आसपाक जायना आनी त्याप्रमाण कार्यालय कामकाजाची वरां संबंदीत अधिकारीणीन थारावपाक जाय. बार असोसिएशनानीय खात्री करपाक जाय की बार रूमानीं गर्दी आसची ना आनी संबंदीत न्यायालयांच्या कार्यालयीन कामकाजाच्या वेळे भायर उकते दवरचे न्हय. तशेंच कोर्टातले कॅन्टीन्स, काफेतेरिया लेगीत वयल्या कामकाजाच्या वरां उपरांत बंद आसपाक जाय.

वयल्या न्यायालयांचे कामकाज अटळ आसल्याबगर पक्षकाराच्या उपस्थितीचो आग्रह धरचो न्हय. न्यायालय प्रकल्पांत गर्दी टाळपाखातीर न्यायालयीन अधिकारी आनी अर्दन्यायिक प्राधिकरणांनी योग्य उपाययेवजण करपाक जाय. कोर्टान अशीलाक कोर्टात हजर रावपाखातीर निर्देश दिल्लो नासल्यार वा उपस्थितीची गरज

नासल्यार वकील आपल्या क्लायंटाक न्यायालयात न येवपाचो सल्लो दिवपाक शकता. सद्याची परिस्थिती तशीच उरल्यार आनी पक्षकार गैरहजर राविल्ल्याचे दिसून आयल्यार अशा वेळार कसलोय प्रतिकूल / विरूध्द आदेश दिवपाक शकना. पक्षकार / वकील / साक्षीदाराक स्थगिती मेळोवपाची संद मेळूक शकता. दिवाणी प्रकरणांबाबतीत, जंय शक्य आसा थंय दोनीय पक्षकारांची संमती घेतलेउपरांत पुराव्याची नोंद करपाखातीर थळाव्या आयुक्तांची सेवा घेवपाक शकता.

व्हिडीओ कॉन्फरन्सिंगची सुविधा उपलब्ध आसल्यार अंतिम युक्तिवाद प्रकरणात पुराव्यांच्या उद्देशान शक्य आसा तसो वापर करपाक शकता. शक्य आसा थंय लेखी सबमिशन कोर्टात सादर करपाक सांगपाक शकता आनी तोंडी युक्तिवादाची वेळ कमी करपाक शकता. सगळ्यां संबंदीत न्यायालय संकुलांनी भेट दिवप्याखातीर तशेंच कर्मचाऱ्यांखातीर आनी खास करून जंय सतत भौशीक वेव्हार जाता थंय सेनिटायझर्स दवरपाक जाय. हाऊसकीपिंग एजन्सी / कर्मचाऱ्यांनी न्यायालय प्रकल्पांनी नितळसाण राखची आनी नेमान जंतुनाशकांची फवारणी करची. कोरोनाचो धोको टाळपाखातीर सगळें तरेचे प्रतिबंधात्मक उपाय करपाक जाय.

वकिलांच्या चेंबरासयत न्यायालय संकुलात कसल्याय प्रकारची गर्दी जावपाक दिवची न्हय. कोर्टाच्या कामकाजावेळार गरजेचे समाजिक अंतर राखपाक जाय. वकील आनी कागाळदारांनी आपले प्रस्न सोडोवपाखातीर दिल्ल्या वेळेक पाळो दिवचो आनी उपस्थितीवेळार समाजिक अंतराचे पालन करचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/439

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji